# भारतीय लश्कराक शौर्य आनी त्यागाचो व्हड इतिहास आसा- राज्यपाल

ता. 7 मार्च 2025

नवी दिल्लीत 26 जानेवारी 2025 दिसा कर्तव्यपथार प्रजासत्ताक दीस संचलनात सहभागी जाल्ल्या गोंयच्या एनसीसी छात्रसैनिकांचो आयज राजभवनार आयोजीत कार्यक्रमात राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांचे हस्तुकीं सन्मान जालो.

प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात उत्कृश्ट संचलन केल्ले खातीर राज्यपालान गोंय आनी कर्नाटकातल्या एनसीसी छात्रसैनिकांची तोखणाय केली आनी भारतीय लश्कराक शौर्य आनी त्यागाचो व्हड इतिहास आसून भारतीय सैन्य दळां देशाचे सार्वभौमत्व आनी अखंडता राखपा खातीर आपले कर्तव्य निभायतात, अशें सांगलें.

प्रजासत्ताक दीस बॅनर सर्तीत प्रधानमंत्री बॅनर पुरस्कार 2024-25 फावो जाल्ले खातीर राज्यपालान गोंय आनी कर्नाटक एनसीसी छात्रसैनिक विभागाचे अभिनंदन केले.

कार्यक्रमात फुडें उलयतना राज्यपालान तरणाट्यांमदी शिस्त, देशभक्तीची भावना आनी नेतृत्वगुण रूजोवपाक एनसीसी ची म्हत्वाची भुमिका आशिल्ल्याचें सांगलें.

कॅडेट तुहिन साहा, श्री दामोदर कॉलेज, मडगांव, कॅडेट श्रीदित्या सावंत, जी. एस. आमोणकर विद्या मंदीर म्हापसा, वेदांत चांदेकर, सेंट झेव्हियर कॉलेज, म्हापसा ह्या गोंयच्या एनसीसी छात्रसैनिकांनी ह्या वर्सा प्रजासत्ताक दीस संचलनात वाटो घेतलो.

कार्यक्रमात राज्यपाला हस्तुकीं एनसीसी छात्रसैनिकांक प्रशस्तीपत्रां भेटयली.

एनसीसी विभागाचे उपम्हासंचालक एस. बी. अरूण कुमार हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/214

--
-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.